Pradseshik khabro

21.03.2025 @ 7.20 pm

1 गोंय सरकरान अयोध्या गोवा राम निवास बांधपाक सुवात घेतल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

2 सैमिक आपत्ती शिटकावणी वेवस्था घटमुट जावंचे खातीर राज्य सरकारान माझगांव डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेड ह्या आस्थापनाकडेन समजिकायेची कबलात केल्या.

3 शुक्रारा विरोधी पक्षाच्या आमदारांनी आगामी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची रणनीती आखपाक बसका घेतली.

4 गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत फुफ्फुस कॅन्सरचे तपासणे खातीर ऍस्ट्रा झेनेका वांगडा आशिल्ल्या समजीकायेच्या कबलातीचो विस्तार केला, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हानी दिली

--------------

गोंय सरकरान अयोध्या गोवा राम निवास बांधपाक सुवात घेतल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोयांसावन उत्तर प्रदेशात राम लल्लाचे दर्शन घेवपी भक्ताक थंय रावपाची सुविधा उपलब्ध जावची ह्या हेतान सुवात घेवन राम निवास बांधपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.राम भक्त निवास बांधपाखातीर सुवात दिलले खातीर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ तशेंच उत्तर प्रदेश आवास आनी विकास परीशदेचे उपकार मानल्यात. परशुराम भुमी आशिल्ले गोंय आनी अयोध्या धर्मिक सलोख्यान ह्या निमतान एक जातले , हाका लागुन संस्कृताय, भक्ती तशेचं भारतीय एकात्मतेचे दर्शन जाता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

सैमिक आपत्ती शिटकावणी वेवस्था घटमुट जावंचे खातीर राज्य सरकारान माझगांव डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेड ह्या आस्थापनाकडेन समजिकायेची कबलात केल्या. ह्या नव्या वेवस्थेत एआय आधारीत तंत्रज्ञान वापरतले. हुंवार, चक्रीवादळ आनी भूंयकांप सारकिल्या घडणुकां खातीर आपत्ती नियोजन आनी बेगीन प्रतिसाद वेळ दिवपाक ही नवी शिटकावणी वेवस्था मदत करतली. आपत्कालीन प्रतिसाद आनी आपत्तीक फुडो करूंक तयारी करपाखातीर संचार वेवस्थेत घटाय हाडपाक ए.आय. तंत्रगिन्यांन लावकारक थारतले. प्रगत तंत्रगिन्यानाचें एकीकरण केल्यार समन्वय वाडटलो आनी जिवाक आनी मालमत्तेक धोको उणो जातलो. गोंय आतां तंत्रगिन्यान सक्षम, आपत्ती प्रतिरोधक फुडारा कडेन वता आनी आपल्या नागरिकांची बरी सुरक्षीतताय निश्चीत करता हें ह्या गजालीतल्यान स्पष्ट जाला.

गोंय पर्यटन खातें आनि दिवचल शिमगोत्सव समिती हांच्या जोडपालवान दिवचल शारांत बोर्डे दिवचल हांगासर श्री वडेश्वर देवळा लागीं गाराणें घालून मिरवणूक सुरुवात जाली. हे वेळार चित्ररथ ,रोमटामेळ, लोकनाच, वेशभूषा सर्त जाली छत्रपती शिवाजी महाराज मैदानार जाली .शिमगोत्सव मिरवणुकी निमतान येरादारीत बदल केल्लो. महोत्सवाक लोकांनी वडा संखेन येवन आनंद घेतलो अशे दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं सांगले. पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे, दिवचलचे आमदार चंद्रकांत शेटये, मयाचे आमदार प्रेमेंद शेट हे वेळार हजर आशिल्ले.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे मंत्रालयात गोंयच्या शेतकी पिकावळीचो नियाळ घेवपी खासा बसका घेतली. ह्यावेळार गोंयात जावपी तांदळाच्या बीयांण्यांचे जतनुक, नाश्ण्याच्या पिकावळीक आनीक उर्बा दिवप, तांदळाचे अत्याधुनिक मिलिंग मशिन चालीक लावप, स्टेट सीड सर्टीफीकेशन अथोरेटी यंत्रणा चालीक लावप विंशी चर्चा जाली. हे शिवाय,central coastal agriculture reseach , आनी हैदराबादच्या national agriculture reseach management तयार केल्ले agro eco tourism statergy paper रिलीज केले.गोंयच्या

गावगिऱ्या वाठारांनी शेतकी पिकावळ वाढोवपाच्य नदरेतल्यान काम करपाचो आदेश ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शेतकी खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिला.

शुक्रारा विरोधी पक्षाच्या आमदारांनी आगामी अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची रणनीती आखपाक बसका घेतली. या बसकेक युरी आलेमाव, आमदार ॲड. कार्लोस फेरेर, एल्टन डिकोस्टा, विजय सरदेसाई, व्हेंझी व्हीयेगाश आणि क्रूझ सिल्वा उपस्थित आशिल्ले तर आरजी आमदार वीरेश बोरकर येवंक ना. बसके उपरांत माध्यमांकडे उलयताना युरी आलेमाव हांणी म्हणले की, अधिवेशन फक्त ३ दिसां खातीर सोपयले असले तरी राज्य सरकाराक जाप दिवपाक विरोधी पक्षांनी संयुक्त रणनीती आखपाचो निर्णय घेतला . उदकाचो उणाव , खराब रस्ते, कायदो आणि सुव्यवस्था आणि हेर मुद्द्यांवेल्यान सरकाराक नाका पुरो करपाचो विश्वास आसा. आमदार विजय सरदेसाई आणि आमदार ॲड. कार्लोस हांणीय मत मांडले

कॅन्सरा सयत हेर गंभीर दुयेंसांवेलीं वखदां ५० ते ६० टक्के सवाय दरांत उपलब्ध करपाची प्रक्रीया भलायकी संचालनालयान सुरू केल्या. असो प्रस्ताव सरकाराक सादर केला. गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत लंग्स (फुफ्फुस) कॅन्सरचे तपासणे खातीर ऍस्ट्रा झेनेका वांगडा आशिल्ल्या समजी कायेच्या कबलातीचो विस्तार केला, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे पणजे पत्रकार परिशदेत दिली. कॉन्फीडेंशिअलीटी प्रायसींग उपक्रमा खाला कंपन्यां कडल्यान ५० ते ६० टक्के सवाय दरांत वखदां उपलब्ध जातात. भलायकी संचालनालयान ह्या प्रस्तावा विशीं चार ते पांच कंपन्यां कडेन उलोवप केलां. ह्या उपक्रमा खाला वखदां विकत घेवपा खातीर मंत्रिमंडळाची मान्यताय घेवप गरजेचें. भलायकी खात्यान हे विशींचो प्रस्ताव सरकाराक सादर केला. खात्याक सवाय दरात वखदां उपलब्ध जाल्यार दुयेतींकूय तीं सवाय दिवप शक्य जातलें. कॅन्सराचीं वखदां बरींच म्हारग आसतात. हाका लागून उपचाराकूय बरोच खर्च जाता, अशें तांणी म्हणलें. गोंय वैजकी महाविद्यालयांत लंग्स (फुफ्फुस) कॅन्सरची तपासणी दुयेंती एक्सरे काडपाक येतात, तेन्ना करतले. .

दर्यादेगेचर बेवारशी  सुण्यांचे प्रमाण वाडला. कांय जाण सुणी हाडुन दर्यादेग वाटारत सोडटात, ताका लागुन बेवारशी सुण्याचों प्रस्न उप्रासला. ही सुणी भुकेन वळवळील्यान लोकांक तशेंच दर्यादेगेर भोवपाक येवपी पर्यटकांक चावतात, ताका लागुन सरकारान हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी गोंय शॅक धनी संघटनेच्या वांगड्यांनी पणजे पर्यटन भवनात पत्रकार परीशद घेवन केल्या. ह्या पत्रकार परीशदे पयली तांणी गोंय पर्यटन खात्याचे संचालक आनी गोंय पशु संवर्धन खात्याक हो प्रस्न जातात तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी केल्या. इतले मजगती गोंय पर्यटन खात्यान बेवारशी सुण्यांचे निर्बिजीकरण तशेंच दुयेत आशिल्या सुण्याचेंर उपचार करपाच्या हेतान फुडल्या सप्तकातल्यान खासा मोहिम चालीक लावपाचो निर्णय घेतला अशी म्हायती पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक हांणी दिला. तशेंच खबरदारीची उपया येवजण म्हण मिशन रेबिस ह्या संस्थेच्या जोडपालवान मिशन रेबीसची हॉटलायनीची जागृताय पर्यटन वाठारांनी करतले अशी म्हायती नायक हांणी दिल्या.

बायला  कॉंग्रेसीची नवी अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप हांचो  आयज सोपूत विधी जालो. ह्यावेळार राश्ट्रीय बायला मोर्चा अध्यक्ष अल्का लांबा, अखिल भारत कॉंग्रेस समितीची सचिव अंजली निंबाळकार, गोंय प्रभारी माणिकराव ठाकरे,विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोयांत फाटल्या 11 म्हयन्यात बायला आड जावपी गुन्ह्यावांनी वाड जाला. ताका लागुन गोंयची तशेंच देशभरातल्यान येवपी पर्यटक बायला आनी विदेशी बायला पर्यटक गोंयांत सुरक्षित ना, भाजपाचे सरकार गोयचो कायदो आनी सुवेस्था सामाळपाक अपयेसी थारला अशे कॉंग्रेसीची राष्टीय बायला मोर्चा अध्यक्ष अल्का लांबा हिणे म्हणला. जाल्यार तृणमुल कॉंग्रेस आनी आपाक फाटल्या वेचणुकेत लोकांची घरची वाट दाखयल्या, ताका लागुन तांणी आनी परत गोंयांत वेचंणुक लढवची न्ही अशे अंजली निंबाळकार हिणे म्हणला. ह्यावेळार कॉंग्रेसीचे गोंय प्रभारी माणिकराव ठाकरे हांणी पक्ष घटमुट करपाक बायला कार्यकर्तायंनी मुखार सरचे अशे आवाहन केला. स्त्री शक्ती,

बायलांचे हक्क, तशेंच न्याय आनी समाजात समानता मेळोवन दिवपाच्या हेतान आपुण काम करतली अशे नव्यान अध्यक्ष जाल्ली प्रतिक्षा खलप हिणे म्हणला

स्वतचे शॅक गोंयांभायल्या वेवसायिकाकं चलोवपी दिवप्या शॅक वेवसायिकांचेर गोंय पर्यटन खात्यान कारवाय करपाच्या निर्णयाचे गोवा शॅक धनी संघटनेचे अध्यक्ष कुझ कार्दोझ हांणी येवकार केला. गोय पर्यटन खात्यान हालीच 23 शॅकांचेर सबलेटींग केल्याखातीर कारवाय केल्ली. ह्यानपयली लेगीत शॅक सबलेटींग करपाची प्रकरणा सुरुच आशिल्ली , हाका लागुन गोंयचे जे पारंपारीक शॅक वेवसायिक आसात तांच्या वेवसायाचेर वायट परीणाम जातालो. आता सबलेटींगाआड खर कारवाय केल्यान ह्या प्रकरणाक पुर्णविराम लागतलो अशे क्रुझ हांणी म्हणला. हेच प्रमाण दर्यादेग वाठार, तशेंच हेर पर्यटन सुवातीनी जे दलालीपणा करतात , ताचेर लेगीत खर कारवाय जावपाक जाय अशी मागणी तांणी केला. जाल्यार दलालांचो प्रस्न सुटावो करपाखातीर बीच व्हीजील ह्या पर्यटन खात्याच्या एपाचेर कागाळ करात अशे आवाहन पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी केला.

कला अकादमीच्या ४९ व्या कोंकणी नाट्य सर्तीचो निकाल आयज जाहीर जाला. ह्या सर्तित  सत्यम शिवम सुंदरम नाटय संपदा, भोमा-फोंडा ह्या संस्थेन सादर केल्ल्या  "द इन्सिडियस" ह्या नाटकाक  १ लाख रुपयांचे पयलें इनाम फावो जाला. श्री नागेश महालक्ष्मी प्रासादिक नाटयसमाज, बांदिवडे-फोंडा हांच्या  "फायनल ड्राफ्ट" ह्या नाटकाक दुसरें जाल्यार पहाट, गांवडोंगरी-काणकोण हांच्या 'अनकन्डीशनल लव्ह" ह्या नाटकाक तिसरें इनाम फावो जाले. उमेद वाडोवपी इनाम अंत्रुज घुडयो, बांदोडा-फोंडा, नाटक " डॅडी" आनी मुष्टिफंड संस्था, पणजी-गोवा , नाटक - "सुरींग" हांका मेळा

लेखनाखातीर पयले  इनाम - वैभव गोविंद कवळेकर दुसरें इनाम - अविनाश च्यारी खास स्पर्धेखातीर अणकारित / रुपांतरीत केल्ल्या संहितेखातीर इनाम - मुकेश थळी

हांका फावो जाल्यांत. परीक्षक म्हण आनंद मासुर, राजीव हेदे आनी दिलीप धारगळकर हाणी काम पळयले.